# परिषद २०२१-२०२३

## मागणे

पवित्र आत्म्या,
तुज्या नावान आमी एकठाय येतांव,
तुजे मुखार हाजीर आसाव.

आमच्या काळजानी बिराड कर,
आमची पावला चलोवन व्हर.
परिषदेची वाट जी आमी चलची आसा,
ती विश्वाशीपणी चलूंक आमका शिकय.

आमी असक्त आनी पातकी,
आमका गुस्पागोंधळाक सापडूंक दिवू नाका;
नेणारपणाक आमच्या करण्यांचेर प्रभाव घालूंक,
आनी वांकडे वाटेर आमका चोलोवन व्हरुंक,
निर्मू नाका.

तुजे सवे आमचो एकचार दिसू;
अशे, सासणीक जीवीताचे वाटेर सांगाती चलूंक,
सता सरशिली कडसरोना जावूंक,
आनी सदांच बरे ते करुंक आमी पावू.

हे सगळे आमी तुजेलागी मागतांव,
तू जो, सगळे सुवातेर आनी सगळ्या वेळार,
बापा आनी पूताच्या एकपणान वावूरताय,
सासणाच्या सासणाक.

**आमेन!**